**<u>निमकायदो स्वयंसेवक निवडी खातीर अर्ज</u>**

ता. 4 जानेवारी 2021

उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरणान दिसाक 500 रूपया मानधन तत्वाचेर निमकायदो आपवावूरप्यांची निवड करपा खातीर दिवचल, पेडणे, म्हापशें बार्देस, सत्तरी, फोंडे, पणजी तिसवाडी, मडगांव, सांगे, केपे, काणकोण आनी वास्को वाठारांतल्या थळाव्या नागरीकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. तशेंच सध्याच्या इत्सूक निमकायदो आपवावूरप्यांनी परत अर्ज करपाची गरज आसा.

लोकांक आनी खास करून समाजाच्या दुबळ्या घटकांक तांचे घटनात्मक हक्कांविशीं सुशिक्षीत करप, कायदो शिबीरां आयोजीत करपाक प्राधिकरणाक मदत करप, बालहक्क उल्लघन, भुरगीं गायब

जावपाची प्रकरणां नोंद करप, बालमजुरी आनी चली भुरग्याचो गैरवेपार प्रकरणांची संबंदीत यंत्रणांकडेन नोंद करप, बंदखण, पुलीस स्टेशन, लॉकअप, मानसोपचार हॉस्पिटल, बालगृहांनी भेट दिवन आदेशाप्रमाण सेवा करप अशी निमकायदो आपवावूरप्यांची कर्तव्यां आसात.

इत्सूक उमेदवारांनी http://district.ecourts.gov.in/southgoa वा www.ecourts.gov.in, https://districts.ecourts.gov.in/northgoa ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवन विहित नमुन्यातलो अर्ज डावनलोड करून घेवचो आनी तो ता. 30 जानेवारी 2021 मेरेन पोस्ट वा स्वता उत्तर गोंय जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरण, जिल्हा आनी सत्र न्यायालय इमारत, पणजी रेजिडन्सीलागी, पणजी गोंय वा सचिव, दक्षीण गोंय जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरण, मडगांव दक्षीण गोंय हांगा सुपूर्द करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/12

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji